# कोवीड-19 खातीर शार उदरगत खात्याची तयारी

08 एप्रिल 2020

चैत्र 19, 1941

22 मार्च 2020 ह्या दिसा भारताच्या माननीय प्रधानमंत्र्यान समाजीक अंतर/जनता कर्फ्यू संदर्भांत केल्ल्या उल्या प्रमाणें शार उदरगत खात्यान वेपार प्रतिश्ठान, मार्केट स्ट्रीट विक्रेते, फेरीवाले हांकां 22 मार्च 2020 ह्या दिसा सकाळीं 7.00 ते रातचें 9.00 मेरेन बंद दवरपाची सुचोवणी केल्ली. तेच बरोबर शारी उदरगत संस्थांनी योग्य प्रमाणांत संरक्षण सामग्री म्हणल्यार तोंडाचें मास्का, हात धुंवपाची वेवस्था, सॅनिटेशन सेवांची पुरवण केल्ली.

गर्दी कमी करपा संदर्भान शारी उदरगत संस्थांनी मार्केट संघटणां कडेन चर्चा करची आनी 22 मार्च 2020 उपरांत सप्तकी बाजार सोडून बाजारांतलीं दुकानां उकती आसतलीं.

कोविड-19 ह्या महामारी कडेन झगडटना निस्वार्थीपणान आपली सेवा करपी भलायकी कर्मचार्यांचें उपकार मानपा खातीर सांजेच्या 5.00 वरांचेर सायरन वाजवपाचो सल्लो शारी उदरगत संस्थांक दिला. गोंय राज्यांत वाडयल्या तीन दिसांच्या जनता कर्फ्यूंत सॅनिटेशन कामगारां खातीर पुरवण केल्ली सॅनिटेशन सेवा आनी योग्य प्रमाणांत संरक्षण सामग्री म्हणल्यार फेस मास्क, हात धुंवपाची वेवस्था आनी हेर वस्तूंची काळजी घेवपाक सांगला.

तेच भशेन, देशांत 21 दिसा सावन लागू केल्ल्या लॉकडावनाच्या धर्तरेर शारी उदरगत संस्थांक मानक संक्रमण नियंत्रण पद्दतीन आनी क्वारण्टायन घरांतल्यान कोयराचो सुरक्षीत विलो करपा खातीर अतिरिक्त सल्ले दिल्यात. पालिकेच्या कर्मच्यार्यांक कोविड-19 चें काम करतना चड अडचणींक तोंड दिवचें पडटा ते खातीर कांय उपाय येवजण्यो तयार केल्यात. भौशीक सुवातो जशें वेवसायीक वाठार, धर्मीक थळां, नामनेची

पर्यटन थळां अश्यां हेर जाग्यांचे भौशीक वापरा खातीर उगडचें पयली निर्जंतुकरण तशेंच पुराय सॅनिटायझ करून निवळ करचें.

ज्या घरांनी क्वारण्टायन केल्ले लोक आसात त्या घरांनी शारी उदरगत संस्थांनी हळदुवी / केसरी रंगान अंकीत केल्ली खासा कोयर घालपी पोतयांची पुरवण केल्या आनी ह्या कोयराचो विलो जैव वैजकी पद्धतीन करपाक सांगला. क्वारण्टायन नाशिल्ल्या घरांतल्यान मास्क आनी हेर संबंदीत कोयराचो सुरक्षीत विलो लावचो तशेंच कोविड-19 कोयर एकठांय करपी सफाई कर्मचार्यांचें कल्याण करचें. जनजागृताय आनी अंमलबजावणी करपा खातीर  शारी उदरगत संस्थांनी आनी जिल्लो भलायकी प्रधिकारणा वांगडा मेळून काम करपाक सांगला जातूंत कामगारांनी कितें करचें आनी कितें करचें न्हय हे विशीं म्हायती दिवची आनी सगळ्या नागरिकां मदीं कोविड-19 चे संबंदीत मार्गदर्शक सुचोवण्यांचो आनी जागृताय संदेशाचो प्रसार करचो.

शार उदरगत संस्थेन आस्था ह्या बिगर सरकारी संस्थेक शारांतल्या बेघर लोकांक जेवणाची पॅकेटा दिवपाक सांगल्यात. आतां मेरेन शारांतल्या बेघर लोकांक पुलिशेची मजत घेवन 3800 जेवणाची पाकिटां पावयल्यात. लागी येवपी मिर्गा पयली पावसांत हुंवार येवपा पसून आडावपा खातीर कामगारां कडल्यान संबंदीत कार्यक्षेत्रांतल्या नगरपालिकांतली गटारां निवळ करपाक सगळ्या युएलबींक मान्यताय दिल्ली आसून ताका 1.43 कोटी रुपयांचो निधी मंजूर जाला.

लॉकडावन मुजत सोंप मेरेन नितळसाणी विशीं कामाच्या अंमलबजावणीचेर नदर दवरपा खातीर एक देखरेख टीम तयार केल्या, ते भायर प्राथमीक तत्वाचेर क्वारण्टायन घरांतल्या भौशीक शौचालय आनी गर्देच्या सुवातीनी 10% ग्रेड उद्येगीक ग्रेड सोडियम हायपोक्लोरायट सॉल्युशनाचो निर्जंतुकरणा खातीर वापर करचो. हातान वापरपी तशेंच स्वयंचलीत स्प्रेयर दिल्यात. 100% कॉटन कपड्याचे दोट्टी घडये घातिल्ले 2500 मास्क एनयुएलएम अंतर्गत स्वयं सहाय्य गटाक  शिवपाक दिल्यात. क्वारण्टायन केल्ल्या घरांतलो कोयर लागी करपाक नितळसाण कामगार तशेंच हेर

नगरपालिका कर्मचारी आनी हळदुव्या पिशव्यांचो पुरवठो विश्व भलायकी संघटणेच्या मार्गदर्शक तत्वा प्रमाणें केला.

DI/NB/PSN/DK/PN/2020/1815

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA